प्रदेशीक खबरो

19.06.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

आंतरराश्ट्रीय योग दिसाच्या फांटभुयेर आयज  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी योग दिसाच्या कार्यावळीच्या तयारेचो नियाळ घेवपाक पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली

गोविंद गावडे ह्यांच्या सुवातेर नव्या मंत्र्याची नियुक्ती वा शपथविधी विशीं आजूनय निर्णय जावंक ना, अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हानी सांगला

११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसा निमतान २१ जुनाक योग संगम कार्यावळीवरवी देशभर सकाळीं साडे स ते पावणे आठ मेरेन १ लाखां परस चड योग कार्यावळी घडोवन हाडटले

कोंकणी साहित्यीक ग्लीनीस डायस आनी नयना आडारकार हांका साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार फावो जाला.

बिहार, छत्तीसगढ, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र ईशान्य राज्यां सयत कोंकण आनी गोंयात फुडल्या 2-3 दिसांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा

रश्मि 120

आंतरराश्ट्रीय योग दिसाच्या फांटभुयेर आयज  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी योग  दिसाच्या कार्यावळीच्या तयारेचो नियाळ घेवपाक पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली. हयावेळार सामाजिक आनी योग  मळार काम करपी संस्था, तशेंच वेगेवगळ्या सरकारी विभागाचे प्रमुख अधिकारी हाजीर आशिल्ले. स्वस्थ भारत सशक्त भारत, आनी स्वस्थ गोंय  सशक्त गोंय करपाक  जाणट्या तशेचं नेणट्या गोंयकारांनी ह्या योग  दिसाच्या कार्यावळीत  व्हडा आकड्यान हाजेरी लावची, तशेच नित्यनेमान योग  करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार केला. गोडेमुत, रक्तदाब, पयस करपाक तशेच  मानसिक शांतीकाये खातीर  योग  साधना  केल्यार  भलायेकचेर ताचो बरो परीणाम जाता, योग  साधनेन बऱ्याचश्या दुयेसांक पयस करपाची ताक आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणले. गोंयांत  वेगेवगल्या वाठारांनी  सकाळी  6  ते  8  ह्या  वेळात   योगा  जातली.  हांतुन  प्रशिक्षित

योग प्रशिक्षक मार्गदर्शन करतले.योग दिसानिमतान योग करपी मनशांनी योगसंगम .कॉम ह्या संकेत थळाचेर नोंदणी करप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान कळीत केला. Byte

रश्मि 100

मुखेलनमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन आशील्ले आदीवासी खाते अकार्यक्षम जाला असो आरोप कांय दीसा पयली गोविंद गावडे हांणी केल्लो. तांच्या ह्या विधानाची मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक तशेंच भाजपाच्या हाय कमाण्डांन दखल घेवन हे विधान केल्ले खातीर गोविंद गावडे हांका स्पश्टीकरण विचारील्ले. ह्या पयली कला अकादमीच्या नुतनीकरणाच्या बाबत कामाच्या दर्जिवीशी कलाकारांनी गावडेच्या कला आनी संस्कती खात्याचेर प्रस्न उप्राशीत केल्ले.गावडेचे मंत्रीपद वता अशी चर्चाय राजकी मळार सुरू आशील्ली,मात हे खरे काय वाऱ्या वयल्यो खबरो अशी परीस्थीती आसतना काल तीनसाणा गावडे हांका मंत्री पदा वेल्यान कडून उडयला अशी माहिती काल सांजे उसरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी एका खासगी चॅनलाकडे उलयतना दीली .

गणेश 30

गोविंद गावडे हांकां मंत्रिमंडळांतल्यान काडपाचो निर्णय हो पुरायपणान म्हजो आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. नव्या मंत्र्याची नियुक्ती वा शपथविधी विशीं आजूनय निर्णय जावंक ना, अशेंय मुखेलमंत्र्यानी म्हणलें.

DIP 50

कृशी संचालनालयान कृशीकार्ड आशिल्ल्या सगळया शेतकारांक आपल्या आधार लिंक बँक खात्याची म्हायती संबंदीत विभागीय कृशी कार्यालयाक दिवपाची विनंती केल्या. शेतकारांनी नमुन्यातल्या अर्जा सयत बँक पासबूकाची कॉपी/कॅन्सल्ड चेक संबंदीत विभागीय कृशी कार्यालयांत सुपुर्द करचो. ते खातीर आधार कार्ड बँक खात्याक जोडप आवश्यक आसा

सुभाष 110

११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसा निमतान २१ जुनाक योग संगम कार्यावळीवरवी देशभर सकाळीं साडे स ते पावणे आठ मेरेन १ लाखां परस चड योग कार्यावळी घडोवन हाडटले. ' योग फॉर वन अर्थ वन हेल्थ ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेखाला ही कार्यावळ यशस्वी करूंक शाळां

महाविद्यालयांनी सहकार्य करचें अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान केलां. सगळ्या अनुदानीत आनी सरकरी माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी केंद्र सरकारच्या आयुश पोर्टलाचेर वचूंन आपआपल्या योग कार्यावळींची म्हायती दिवंची अशें मागलां. आंतरराष्ट्रीय योग दीसा सकाळी साडे स वरां सावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे भाषण आसतलें तांचे लायव्ह प्रसारण विद्यार्थ्यांक दाखोवपाची वेवस्था करची अशें शिक्षण संचालकांनी मागलां. २१ जून दिसाच्या योग कार्यावळी उपरांत फोटो सयत ल्हानसो अहवाल आयुश पोर्टलाचेर अपलोड करचो अशेंय राज्य शिक्षण संचालनालयान सांगला

सुशांत 140

आंतरराष्ट्रीय योग दिसा निमतान म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या अंतर्गत गोंयच्या केंद्रीय संचारण ब्युरोन आयोजीत केल्ल्या मल्टीमीडिया प्रदर्शनाचें आयज दक्षिण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी अॅग्ना क्लिटस हांच्या हस्तुकी उक्तावण जालें. तीन दिसांचे हे प्रदर्शन मडगावच्या माथानी साल्दाना प्रशासकीय संकुलात भरला आणि ते २१ जून मेरेन लोकांखातीर उक्ते आसतले. प्रदर्शनात वेगवेगळी योगासना कशी करपाची ताची दृष्य स्वरुपात प्रदर्शित केल्या आणि ही आसनां केल्यार हाचो कितें फायदो जावं येता हाची म्हायती तातूंत दिल्या. आयच्या उक्तावण सुवाळ्याक दक्षिण गोंयचे पोलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा तसेच जिल्होधिकारी कार्यालयांतले हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

निरोगी आनी समतोल जिवीत जगपा खातीर योग पद्दतीचें म्हत्व लोकांमेरेन पावोवप हो ह्या प्रदर्शनाफाटलो हेतू आसा. ह्या प्रदर्शनांत मल्टीमीडिया प्रदर्शन, ‘सामान्य योग प्रोटोकॉल’ विशीं म्हायती दिवपी पॅनल आनी वेगवेगळीं श्रव्य-दृश्य साहित्य मांडिल्ले आसा. मजगती, आंतरराश्ट्रीय योग दिसा निमतान दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान दक्षिण पुलिसांच्या आदारान २१ जून दिसा सांगेच्या साळावली धरणाचेर एक कार्यशाळा घडोवन हाडल्या.

प्रसाद 130

स्वामी विवेकानंद वाणिज्य म्हाविद्यालय, बोरी हांणी शेनवार, 28 जून आनी आयतार, 29 जून ह्या दिसा शेतकी महोत्सव घडोवन हाडला.हो महोत्सव बोरीच्या स्वामी विवेकानंद वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या आवारांत जातलो अशी माहिती पत्रकार परिशदेत स्वामी विवेकानंद विद्या प्रसारक मंडळ वेवस्थापकाच्या जाळवनदारांनी दिली byte mob

तरणाट्यां मदीं शेतवडीचो मोग रुजोवपाच्या हेतान हो शेतकी महोत्सव आयोजीत केला. ह्या महोत्सवांत शेतकामाक संबंदीत वेगवेगळे मंडप आसतले, आनी आप मजत करपी गटांतल्या बायलां खातीर खाशेली कार्यावळ आसतली. ह्या वेळार महोत्सवांत शेतकी क्षेत्रांत जावपी

बदलांचेर व्याख्यानां दितले, आनी शेतकी क्षेत्रांत विकसीत जाल्ल्या तंत्रगिन्यानाची आनी शेतकी क्षेत्रांतल्या बदलांची म्हायती जाणकार लोकां दितले. 28 तारखेक शेनवारा फातोडेचे आमदार विजय सरदेसाय उक्तावण  करतले समारोप सुवाळ्यांत उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर मुखेल सोयरे  म्हूण हाजीर आसतले. सुमार 300 लोकांक ह्या वेळार रोपांची वांटणी करतले.

गणेश 120

कोंकणी साहित्यीक ग्लीनीस डायस आनी नयना आडारकार हांका साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार फावो जाला. साहित्य अकादेमीन पुरस्कारांची घोशणा केल्या.  गावगाथा काणी संग्रहा खातीर ग्लीनीस डायस हांगा साहित्य अकादेमीचो युवा पुरस्कार फावो जाला. बेलाबायचो शंकर आनी हेर काणया पुस्तका खातीर नयना आडारकार हांका बाल साहित्य पुरस्कार फावो जाला. मराठीत प्रदीप कोकरे हांच्या खोल खोल दुश्काळ डोळे ह्या कादंबरीक साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला. पुरस्कार मेळील्यान माका बरीच खोशी जाली. कुर्डी गावात म्हजो जल्म जालो. गावगाथा ह्या काणी संग्रहात कुर्डी गावाचेर एक कथा आसा. हो पुरस्कार लेगीत हाव कुर्डी गावच्या लोकांक ओपता, अशें ग्लीनीस डायस हांणी सांगलें. म्हज्यो कथा ह्यो पारंपरीक स्वरूपाच्यो ना. तांका वेगळो आयाम आसा. वेगळो आशय आसा. बेलाबायचो शंकर आनी हेर काणयो ह्या पुस्तकाक बालसाहित्य पुरस्कार फावो जालो म्हूण माका खोशी जाली, अशें नयना आडारकार हांणी सांगलें.

DIP 70

उच्च माध्यमीक/महाविद्यालय/विद्यापीठ पांवड्यावेल्या शिक्षणीक संस्थां खातीर तियात्र सर्त' हे येवजणे खाला गोंयची तियात्र अकादेमी शंबर टक्के विद्यार्थ्यांच्या सहभागान तियात्रा आयोजीत करून येवजणेचो फायदो घेवपाक शिक्षणीक संस्थांक आमंत्रीत करता . तियात्र पारंपारीक रुपान सादर केले तियात्रत 10 संस्थांक अर्थीक मजती सयत वांटो घेवपाची संद दितले.

Cricket 40

लीड्सांत इंग्लंडा आड जावपी पयले कसोटी खातीर दादल्यांच्या निवड समितीन हर्षीत राणाचो आस्पाव भारतीय पंगडांत केल्ल्याची म्हायती भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान केल्या. शुबमन गिलाच्या फुडारपणा खाला हो पंगड शुक्रारा लीड्सांतल्या हेडिंगली हांगा सुरू जावपी इंग्लंडा आड पांच मॅचींची कसोटी मालिका खेळपाक तयार आसा.

हवामान 50

बिहार, छत्तीसगढ, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र ईशान्य राज्यां सयत कोंकण आनी गोंयात फुडल्या 2-3 दिसांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. फाटल्या 24 वरात राज्यात पावसाची नोंद 10.5 मिलीमिटर इतली जाल्या